# <u>सांग्यार प्रजासत्ताक दीस मनयलो</u>

ता. 26 जानेवारी 2020

सांगेच्या उपजिल्हाधिकारी कार्यालय प्रकल्पात आयोजीत प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात आमदार श्री. प्रसाद गांवकर हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हूबयलो.

ह्या वेळार उलयताना श्री. गांवकार हांणी प्रत्येक नागरिकान देश हिताक प्राधान्य दिवन देशाच्या विकासा खातीर एकजूटीन काम करपाचो उलो मारलो. प्रत्येकान आपले कर्तव्य समजून देशाच्या उबारणीक योगदान दिवपाची गरज आसा, अशें तांणी सांगले.

सुरवातीक श्री. गांवकार हांणी पुलीस पंगडाच्या संचलनाची पळोवणी करून मानवंदना स्विकारली.

सांगेचे नगराध्यक्ष श्री. रूमाल्डो फर्नांडिस, उपजिल्हाधिकारी श्री. अजय गावडे, मामलेदार श्री. मनोज कोरगांवकर आनी हेर अधिकारी आनी नागरीकांची सुवाळ्याक उपस्थिती आशिल्ली.

सुवाळ्यात सांगे म्हालातल्या वेगवेगळ्या शाळांच्या भुरग्यांनी देशभक्ती गीतां आनी सांस्कृतीक कार्यक्रम सादर केलो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/76